**Panaji National News 21 Aug 2026, 6.30 pm**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज नवी दिल्लींतल्या वीस स्पेस स्टार्टअपांचे मुखेल कार्यकारी अधिकारी (सीईओ) आनी संस्थापक हांचे कडेन संवाद सादलो. ह्या संवादांत प्रधानमंत्र्यांनी लोकांचें जिवीत सुदारपा खातीर अंतरिक्ष तंत्रगिन्यानाचो व्यापक उपेग करपाचो उलो मारलो.अंतरिक्ष उद्देग आनी हेर समाजीक उदरगत क्षेत्रां मदीं चड सहकार्याचेर भर दिवन प्रधानमंत्र्यान अंतरिक्षा विशीं तरणाट्या मनांत जिज्ञासा आनी आवड वाडोवपा खातीर अटल टिंकरिंग लॅबा वांगडा चड सहकार्याक उर्बा दिलें. तशेंच नव्या क्षेत्रांत धैर्य दाखोवन फुडाकार घेवपा खातीर अंतरिक्ष क्षेत्रांतल्या फुडाऱ्यांक परबीं श्री मोदी हांणी दिली.

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह हानी आयज अस्तन बंगालच्या सिलीगुडी हांगा सशस्त्र सीमा दळांच्या मुख्यालयात जायत्या प्रकल्पांचे उक्तावन केले आणि बुनियाधी फातर घातले. ह्या सुवाळ्या उपरांत जवानांक संबोधित करताना शाह हाणी नमूद केले की, सुवेंदू अधिकारी मुखेलमंत्री झाल्या सावन सीमा सुरक्षेखातीर पूराय तेको दिलो वता. अस्तंत बंगालांतल्या प्रस्नां संबंदी व्हड प्रमाणांत चर्चा जाल्ल्याचो उल्लेख घरमंत्र्यानी केलो. केंद्रांत भाजपा सरकार सत्तेर आयल्या उपरांत शिमेचे सुरक्षा जापसालदार कर्मचाऱ्यांच्या कल्याणाक सगळ्यांत चड प्राधान्य दिलां अशें घरमंत्र्यानी सांगलें.

केंद्रीय इलेक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी आयज मोबायल फोन तयार करपाची येवजण- एम पी एम एस सुरू केली. केंद्रीय मंत्रीमंडळान फाटल्या म्हयन्यांत 62 हजार 500 कोटी रुपयांचो अर्थसंकल्पीय खर्च करून हे येवजणेक मान्यताय दिली. नवी दिल्लींत मिडियाक संबोधीत करतना श्री वैष्णव हांणी सांगलें, ही येवजण 1 एप्रील 2026 सावन लागू जाल्या.

ब्रिक्स आय सी टी ट्रॅक बसकेच्या निमतान , भारत आनी ब्राझीलान दूरसंचार आनी माहिती तश्येच संचार तंत्रगीन्यान (आयसीटी) वाठरातले सहकार्य अधिक घठमूठ करपाखातीर एका समजीकायेच्या कबलातीचेर सयो केल्यात. अश्ये दूरसंचार विभागान सांगला. दूरसंचार विभागान एका सोशल मीडिया पोस्टत म्हटला की, या काबालातिक लागून डिजिटल नव्या उपक्रमाक चालना मेल्टली., डिजिटल मुळाव्यो सुविधा घटमूठ जातल्यो आणि नव्या तंत्रज्ञानातल्या सहकार्याक उर्बा मेळटली.

BWF बॅडमिंटन संवसारीक चॅम्पियनशिपांत, भारताची ट्रीसा जॉली आनी गायत्री गोपीचंद हांणी बायलांच्या दोट्टी गटाच्या सेमीफायनलांत पावलं घाला. हि जोडी आता शेनवारा लियू शेंग शु आनी तान निंग हांचे आड सेमीफायनलीत खेळटली. मजगतीं, दादल्यांच्या दोट्टी सर्तींत सात्विक सैराज रँकिरेड्डी आनी चिराग शेट्टी हांची जोडी, चीनाच्या लिआंग वी कँग आनी वांग चांग हांचे आड खेळतली.

हॉकींत आयज नेदर्लंडत जावपी एफ आय एच विश्वचषकाच्या दुसऱ्या पूल टप्प्याच्या सुरवातीच्या मॅचींत भारतीय बायलांचो पंगड नेदर्लंडसा आड खेळटलो. ही मॅच भारतीय मानक वेळा प्रमाण रातच्या 9:30 वरांचेर सुरू जातली.

भारतीय हवामान खात्यान उदेंत मध्य प्रदेशाचेर आयज चड पावस पडपाचो अदमास आशील्य्यान ORANG ALERT जारी केला. फाल्यां मेरेन उत्तराखंड, छत्तीसगढ़, हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, ओडिशा, उप हिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम, उत्तराखंड, आनी अस्तंत उत्तर प्रदेश हांचेर व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आयएमडीन उक्तायल्या. फाल्यां मेरेन अंडमान आनी निकोबार जुंवे, आंध्र प्रदेश, उत्तर आंतराश्ट्रीय कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांचेर जोगला आनी वादळी वाऱ्या वांगडा गडगड येवपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. फुडले दोन ते तीन दीस बिहार, दर्यादेगेवेल्या कर्नाटक, उदेंत राजस्थान, झारखंड, ओडिशा, दक्षिण आंतराळ कर्नाटक, तेलंगणा, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम हया वाठारांनीय अशीच हवामानाची परिस्थिती उरपाची शक्यताय आसा.